# छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो

ता. 15 फेब्रूवारी 2018
26 माघ 1939

राज्य पातळीवयलो छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो ता. 19 फेब्रूवारी दिसा सकाळी 8.45 वरांचेर फर्मागुढी-फोंडे हांगा जातलो. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान ग्रामपंचायत बांदोडा आनी जिल्हो पंचायत वांगडी, कवळे हांच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या सुवाळ्यात मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर, भौशीक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर, कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे, आमदार श्री. रवि नाईक, श्री. सुभाष शिरोडकर, जिल्हो पंचायत वांगडी श्रीमती चित्रा फडते, बांदोडेचे सरपंच श्री. रामचंद्र नाईक, म्हायती आनी प्रसिध्दी सचिव श्री. सुधीर महाजन आनी हेर मानेस्त छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याक फुलाहार घालून आदरांजली ओपतले.

ह्या वेळार कोल्हापूरचो लोकमान्य पंगड मर्दानी खेळ पथनाट्य सादर करतलो तशेंच बाल भवनची भुरगीं पोवाडे गायतली.

ते उपरांत श्री. गणपती देवस्थानच्या प्राकारात जावपी कार्यक्रमात मान्यवरांची भाशणां जातली. पुण्यातले इतिहास अभ्यासक डॉ. लहू गायकवाड हांचे शिवाजी महाराजाची जीण आनी कार्याचेर उलवप जातले. हो कार्यक्रम सोपले उपरांत शाळांच्या भुरग्यांखातीर संवादफेक सर्त, महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर वक्तृत्व सर्त जातली.

सांजेच्या 7.45 वरांचेर पुण्यातल्या सिमांत  नाट्यसंस्थेवतीन 'रायगडला जेव्हा जाग येते' ह्या मराठी इतिहासीक नाटकाचो प्रयोग जातलो. ह्या वेळार फोग लावपाचोय कार्यक्रम जातलो.

ता. 20 फेब्रूवारी दिसा सांजेच्या 7.00 वरांचेर नागेशीच्या श्री रवळनाथ प्रासादिक नाट्य मंडळावतीन 'आकाश मिठी' ह्या मराठी नाटकाचो प्रयोग जातलो.

तशेंच छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळ्या निमतान राज्याच्या हेर वाठारातय नाटकाचे प्रयोग जातले. ता. 18 फेब्रूवारी दिसा  रातच्या 10.00 वरांचेर रविंद्र भवन कुडचडे हांगा पुण्यातल्या सिमांत  नाट्यसंस्थेवतीन 'रायगडला जेव्हा जाग येते' ह्या नाटकाचो प्रयोग जातलो आनी हेच नाटक  सांजेच्या 7.00 वरांचेर रविंद्र भवन साखळी हांगा जातले.

ता. 20 फेब्रूवारी दिसा रातच्या 8.30 वरांचेर दोनमाड केरी सत्तरी आनी ता. 21 फेब्रूवारी दिसा रातच्या 9.00 वरांचेर रविंद्र भवन मडगांव हांगा नाटकाचो प्रयोग जातलो.

तशेंच ता. 20 फेब्रूवारी दिसा सांजेच्या 7.00 वरांचेर हनुमान नाट्यगृह म्हापसा हांगा ओंकार थिएटर पेडणेवतीन मराठी नाटक 'रायगडला जेव्हा जाग येते' सादर करपाक येतले. तशेंच हेच नाटक ता. 21 फेब्रूवारीक सांजेच्या 7.00 वरांचेर समाज सभाघर कोरगांव पेडणे आनी ता. 22 फेब्रूवारीक सांजेच्या 7.00 वरांचेर रंगाई देवस्थान शिगांव-कुळे धारबांदोडा हांगा जातले.